**Aakashvani Panaji Regional news 7.25 am 8th November 2025**

कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात आयज भारताचे राष्ट्रीय गीत 'वंदे मातरम' ह्या गीताच्या 150व्या वर्साच्या फाटंभुयेंर खासा शासकीय कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. ह्या गीताची दरेक ओळ आमच्या मातृभूमीची तोखणाय करता आनी इतली विविधताय आशिल्ल्या भारताक एकठांय हाडपाची प्रेरणा हें गीत आमकां दिता. ह्या गीतांतल्यान प्रेरणा घेवन आमच्या स्वातंत्र्या खातीर झुजपी देशा खातीर जगचें अशें हांव तरणाट्यांक आवाहन करतां. भारताचे प्रगती खातीर तशेंच 2047 वर्साच्या विकसीत भारताच्या सपना खातीर जगात, तरणाट्यां खातीर जायत्यो संदी आसात. राष्ट्राच्या सपनांतल्यान आपलीं सपनां पुराय करात आनी राष्ट्र निर्माते जायात अशें मुखेल्मंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी तरणाट्यांक आवाहन केलें. हें गीत आमच्या देशाचें काळजाचें ठोके जाल्या अशे मुखार उलयतना तांणी म्हणलें. फुडली कांय दसका म्हत्वाची आसात आनी तातूंत तरणाट्यांची व्हडली भुमिका आसा अशें तांणी सांगलें.

भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सवाच्या 56व्या आवृत्तींत 81 देशांतले 240 वयर चित्रपट आसतले, तातूंत 13 संवसारीक प्रीमियर, 5 आंतरराष्ट्रीय प्रीमियर, आनी 44 आशियाई प्रीमियर आसतले. ब्राझीलीयन फिल्म निर्मातो गब्रिएल मास्कारो हाच्या साय-फाय फन्टासी फिचर *द ब्लू ट्रेल* च्या आदारान हो महोत्सव सुरू जातलो. जपान देशाक अंदुच्या iffi तल्या country in focus चो मान फावो जाला. स्पेन हो भागीदार देश आनी ऑस्ट्रेलियाक spotlight मान फावो जाला. ह्या महोत्सवांत बायल दिग्दर्शकांचे 50 वयर चित्रपट दाखयतले आनी वेब आनी ओटीटी सामुग्री खातीर नवे पुरस्कार सुरू करतले. भारतीय पनोरमा विभागांत 25 फिचर फिल्मां, 20 बिगर फीचर फिल्मां, आनी 5 पदार्पणाचीं फिचरां सादर करतले, राजकुमार पेरियासामी हांणी दिग्दर्शीत केल्ल्या *अमरन* (तमिळ) आनी नोन फीचर फिल्मां *काकोरी* हांणी सुरू करतले. महोत्सवाच्या उत्सवाचो एक भाग म्हूण सिनेमांतलीं 50 नामनेचीं वर्सां पुराय केल्ल्यान समारोप सुवाळ्यांत आख्यायिक अभिनेतो रजनीकांत हांचो भोवमान करतले. हो महोत्सव 20 ते 28 नोव्हेंबर 2025 मेरेन गोंयांत जातलो

गोयात जावपी आगामी भारतीय आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव - इफ्फी २०२५ निर्मात्यां खातीर जगाकडे एक पूल म्हण काम करतलो अशे.नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उलयताना माहिती आणि प्रसारण राज्यमंत्री डॉ. एल. मुरुगन हाणी म्हणले.चित्रपट महोत्सवात ८१ देशांतले २४० चित्रपट प्रदर्शित जातले,देखुन इफ्फी भारतीय चित्रपटांक एक जागतिक व्यासपीठ प्रदान करतले. इफ्फीत एआय आणि एआय-आधारित सामग्री खातीर समर्पित विभागासयत नवीन तंत्रज्ञानाचो समावेश करतले. या वर्षी बायलांनी दिग्दर्शित केले ५० परस चड चित्रपट प्रदर्शित करतले जाका लागुन सरकारच्या नारी शक्तीच्या दृष्टिकोनाक चालना मेळतली अशे ताणी सांगले

हे वेलार भारताच्या फिल्मात वापरपि तंत्राण्यानावीशी फिल्म कलाकार, निर्माता आणि निर्देशक शेखर कपूर हाणी सांगले

भारतीय फिल्म जागतिक पावडयार महत्वाची आणि मुखार पावलयात हे विशी तानी सांगले

गोंय सरकारान उच्च आनी उण्या धोक्याच्या वर्गा सयत सगल्या इमारतीं खातीर उजो पालोवपी आनी आपत्कालीन सेवा ना आक्षेप प्रमाणपत्र (एनओसी) ची वैधताय एक वर्सा वयल्यान पांच वर्सां मेरेन वाडयल्या. उजो पालोवपी यंत्रणा कार्यक्षम आसा हाची खात्री करपी वर्सुकी स्वताचें घोशणापत्र मालकांनी सादर करचें पडटलें. सुरक्षेचे उपाय सांबाळूंक ना जाल्यार अधिकारी अचकीत येंवन ताची तपासणी करूं शकतात आनी एनओसी रद्द करूं येता अशी म्हायती उजो पालोवपी दळाचे संचालक नितीन रायकार हांणी दील्या.

प्रसार भारतीन आयज सांजवेळा 5 वरांचेर रसायन विज्ञान विभाग गोवा विद्यापीठ, बांबोलीच्या सभाघरांत सादर केल्ल्या 67व्या आकाशवाणी संगीत सम्मेलनाक

महासंचालक आकाशवाणी सगळ्यांक सादर आमंत्रण दिता. मराती नाट्यसंगीत प्राची प्रदीप जाथार सादर konkani geet सादर करतले डॉ शकुंतला भरणे अस्तंती शास्त्रीय संगीत व्हायोलीन युगल, देब शंकर रॉय आनी ज्योति शंकर रॉय हांणी सादर करतले.

वाइड संवसारीक करंड सर्तीच्या पयल्या दोन फेरयांनी 14 खेळगडे भायर पडले आनी आतां 10 भारतीय खेळगड्यानी तिसऱ्या फेरयेंत पावल घाला.

काल अरपोरा हांगाच्या रिसॉर्ट रिओ कन्व्हेंशन सेंटरांत तिसऱ्या खेळांच्या मालिकेत 1 फेरयेंचा सर्तीत खेळटात .

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 22